# कलांतर 2025 कला महोत्सवा खातीर प्रवेशिका मागयल्यात

ता. 13 ऑक्टोबर 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन चित्रकला, डिजिटल कला, सर्जनशील लेखन, कथाकथन, गायन, संगीत, नृत्य आनी अभिनय अशा विविध कला प्रकारांत विविध पिराय गटांखातीर राष्ट्रीय पांवड्याचेर ऑनलायन वर्सुकीं "कलांतर 2025" कला महोत्सव आयोजीत करतले.

कलांतर ही देशातली एक नामनेची संस्था आसून 2012 सावन ही संस्था कलेच्या मालार काम करता आनी कलेच्या माध्यमातल्यान सामाजीक बदल घडोवन हाडपाचो यत्न करता. संस्था वेगवेगळ्या पिराय गटात विविध राष्ट्रीय पांवड्याचेर सर्तींचे आयोजन करता.

ह्या कार्यक्रमाचे खाशेलपण म्हळ्यार बंदखण, वृद्धाश्रम, महिला आश्रयस्थान, बाल सुधारगृह आनी अनाथाश्रमातली भुरगीं सर्तींनी वाटो घेतात.

कलांतर 2025 खातीर सगळ्या गटात ऑनलायन प्रवेश अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 21ऑक्टोबर 2025 आसा.

अदीकमाहितीखातीर www.kalantarart.org वा https://artfestivals.kalantarart.org/competitions/register चेर भेट दिवची. द्या.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/812

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.